**सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शना खातीरच्या  सचिवालय समितीची बसका जाली**

ता. 23  ऑगस्ट  2024

मुख्यमंत्री डॉ.  प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज पर्वरे मंत्रालयांत सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शना खातीरच्या  सचिवालय समितीची पयली बसका जाली. पोरणे गोंय हांगा 21 नोव्हेंबर 2024  ते 5 जानेवारी 2025 मेरेन सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शन जातले.  बसकेत  प्रदर्शना संबंदीत आयोजीत कार्यक्रमांचे नियोजन,  वेवस्था आनी  देखरेख अशां विशयांचेर चर्चा जाली.

सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शन काळात गोंयांत भेट दिवपी यात्रेकारांक उत्कृश्ट सुविधा दिवपाक सरकाराचे प्रयत्न आशिल्ल्याचें सांगून मुख्यमंत्र्यान उपलब्ध साधनसुविधा,  नवीन साधनसुविधांची गरज,  येरादरी आनी हेर वेवस्थेचो नियाळ घेतलो.

यात्रेकारांक निवास,  प्रवास आनी हेर सुविधांचे बुकिंग करपा खातीर आर्चडायोसीसच्या सहकार्यान पोर्टल सुरू करपात येतलो.  चर्च वाठारांत यात्रेकरू केंद्र उबारपात येतले.  सांता मोनिका चर्चींत 65  गोंयकार कलाकारांचे कला प्रदर्शन आयोजीत करपात येतले.  बसकेत सुशोभिकरण,  रस्ते,  टॉयलेट,  विद्युतीकरण,  सीसीटीव्ही कॅमेरा,  सुरक्षा वेवस्था,  पार्किंग, इलेक्ट्रिक बुगींस आनी हेर सुविधांचेर चर्चा जाली.

बसकेक सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शना खातीरच्या  सचिवालय समितीचे उपाध्यक्ष पंचायत मंत्री मॉविन गुदिन्हो आनी पर्यावरण मंत्री आलेक्स सिक्वेरा,  सचीव (महसूल) श्री.  संदीप जॅकीस,  भौशीक  बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य अभियंता श्री.  उत्तम पी. पार्सेकर,  प्रदर्शन  समितीचे समन्वयक फा.  हेनरी फाल्काव,  फा.  लॉरेन्स फर्नांडिस आनी  सरकारी  विभागांचे  अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/     / विगां/ 2024/436

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.